Panaji Regional
4th November 2026
0725

Ganesh -
एसटी आरक्षणा विशीं मुंबय उच्च न्यायालयान एसटी लोकसंख्येची अधिसुचोवणी जारी करपाक स्थगिती दिवपी आदेशा आड गोंय सरकारान सर्वोच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केल्या. राज्याचे ॲडव्होकेट जनरल देविदास पांगम हांणी ही म्हायती दिली. केंद्र सरकार आनी एसटी समाज सर्वोच्च न्यायालयांत स्वतंत्र याचिका दाखल करतलो. हाका लागून मुंबय उच्च न्यायालयाच्या आदेशा आड तीन याचिका सर्वोच्च न्यायालयांत आसतल्यो.

मुंबय उच्च न्यायालयाच्या आदेशाक सर्वोच्च न्यायालयांत स्थगिती मेळटली. स्थगिती उपरांत एसटी आरक्षणाची प्रक्रिया बेगिनूच पुराय जातली, असो विस्वास मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला.
एसटी आरक्षणा विशीं एसटी लोकसंख्येची अधिसुचोवणी जारी करपाक मुंबय उच्च न्यायालयान स्थगिती दिल्या. हाका लागून एसटी आरक्षणाचे प्रक्रियेक आडखळ निर्माण जाल्या. हाचेर कायदेशीर उपाय काडपा खातीर सोमारा दिल्लींत बसका जाली. देशाचे सॉलिसिटर जनरल तुषार मेहता हे बसकेक हाजीर आशिल्ले.

Rashmi
मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंगळरुत आयोजीत पयल्या संवसारीक कोंकणी संगीत महासंमेलनाचे कार्यावळीत काल वाटो घेतलो. ह्या संमेलनांत मांड सोभाण ह्या संस्थेच्या ४० वर्साच्या प्रवासाचो आनी कोंकणी भाशेच्या समृद्ध सांस्कृतिक वारशाचो उत्सव मनयलो. मुखेलमंत्र्यांनी मांड सोभाण, संस्थेचे अध्यक्ष लुई जे. पिंटो, डॉ. रोनाल्ड कोलासो आनी ह्या इतिहासिक सुवाळ्याचे आयोजन करपी पुराय समितीचें अभिनंदन केलें.ह्या उपक्रमांत गोंयातल्यान ५३ पगड वांटेकार जाल्याची माहिती मुखेमंत्र्यांनी दिली.

Rashmi

August 2027 मेरेन गोंयात उदकाचो मुबलक साठो आसा. गोंयात शेतकी आनी उद्देगीक मळाक वापरपा खातीर फावो तीतले उदक आसा. हे शिवाय उदकाच्या पातळेची देखरेख करपी समीती सरकारान नेमल्या. उदकाचो उणाव गोंयात जावचो ना अशे उदकास्रोत मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी म्हणला. अंदु पावस उणो पडला, हे फांटभुयेर उदकाचो उणाव जाव येता कांय ह्या प्रस्नाक जाप दीतना मंत्री शिरोडकर उलयताले.

90
कुशावती जिल्ह्याचे वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान १ जानेवारी २०२७ ही पात्रता तारीख धरून मतदार वळेरेंची खास संक्षिप्त पुनरीक्षण' जाहीर केला.एकत्रित मसुदो मतदार वळेरी १२ नोव्हेंबर २०२६ दिसा प्रसिद्ध करतले. ताचे उपरांत ११ डिसेंबर २०२६ मेरेन दावे आनी हरकती दाखल करपाची मुदत आसतली. नोव्हेंबराच्या अखेरेत आनी डिसेंबराच्या सुरवेक खास मोहीमेच्या दिसांचे आयोजन करतले. उपरांत ४ जानेवारी २०२७ दिसा अंतिम मतदार वळेरी प्रसिद्ध करतले. सगळ्या पात्र नागरिकांक, खास करून १८ वर्सां पुराय करपी मतदान करपी नव्या मतदारांक, मतदार म्हणून आपलें नाव नोंदणी करचें, अशें प्रशासनान आवाहन केला.

Mahesh

गोंय आतां फकत दर्यादेग आनी आराम करपी सुटयेची सुवाते परस फुडें वचून खेळां सर्ती खातीर आंतरराष्ट्रीय केंद्र म्हूण स्वताची उदरगत करपाचो यत्न करता. हाचे वरवीं राज्य सरकार संवसारभरांतले खेळगडे आनी खेळां मोगी आकर्शीत करपाचे दिकेन वावुरता. पर्यटनाच्या व्याप्तींत विविधताय हाडप, वर्सभर पर्यटकांक आकर्शीत करप आनी थळाव्या वेवसायांक आनी समाजां खातीर संदी निर्माण करपाच्या राज्याच्या धोरणाचो एक महत्त्वाचा भाग 'खेळ पर्यटन' आसा अशें गोंयचे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हाणी सांगले.

Sports –

रणजी ट्रॉफी एलीट क्रिकेट सर्तीच्या अंदूंच्या हंगामांत पयलें जैत जोडपाचे दिकेन येजमान गोंय पंगडान पावलां मारल्यात. 'अ' गटातली ही मॅच कांपाला वयल्या पणजी जिमखाना मैदानाचेर चालू आसा. गोंयान पथल्या डावांत 397 धांवड्यो

केल्या उपरांत बिहारचो पयलो डाव 107 धांवड्यांचेर गुठलायलो. ते उपरांत बिहाराक फॉलोऑन दितना दुसऱ्या दिसाचो खेळ सॉप मेरेन तांची अवस्था 3 बाद 63 अशी केली. बिहार पंगड अजून 227 धांवड्यांनी फार्टी आसा.

Weather –

आज राज्यांत गडगड मारून हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.